2 February 2025

सकाळी – 8.40

राष्ट्रीय खबर

<u>मुखेल खबरो</u>

- केंद्रीय अर्थसंकल्पांत शेती, ग्रामीण , शार उदरगत हांचेर भर दिला. आनीक सुदारणांचेर भर दिवपाचें काम चालूच आसा, अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां.

- दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेखातीरचो प्रचार तेंशेर पावला. आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आरके पुरम हांगा भौशीक बसकेंत, उलोवप करतले.

- छत्तीसगडांत बीजापूर जिल्ह्यांत, सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकीत, आठ माओवाद्यांक मरण आयलें.

- श्राची राहर बंगाल टायगर्सान, हैदराबाद टूफन्साक 4 आड 3 अशे हारोवन, हॉकी इंडिया लीग खिताब जिखलो.

- कुआलालंपूरांत आयसीसी अंडर-19, बायलां टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत, आयज दनपारां भारत आनी दक्षिण आफ्रिके आड खेळ जातलो.

<u>Sitharaman Budget -</u>

केंद्रीय अर्थसंकल्पांत शेती, ग्रामीण समृध्दी, शार उदरगत हांचेर भर दिला आनी सुदारणांचेर भर दिवपाचें काम चालूच आसा अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमाक मार्गदर्शन करतना अर्थमंत्र्यानी सांगलें, विकसित भारता कडेन अर्थसंकल्पांत जायत्यो गजाली सांगल्यात. स सुदारणां वळखून घेतल्यांत, जातूंत सरकार आपलो सुदारणा अजेंडा चालू दवरतलो अशें तांणी सांगलें. अर्थसंकल्पांत भलायकी आनी शिक्षणाच्या हितसंबंदांक प्राधान्य दिलां अशें सीतारामन हांणी सांगलें. लोकांच्या आवाजाक जाप दितना फाटल्या जुलयांत जाहीर केल्लें येणावळ कर सोंपेपण पयलींच आपल्या कामांत पुराय जालां अशें अर्थमंत्रीन उक्तायलें. हे संबंदीचें नवें येणावळ कर विधेयक फुडल्या सप्तकांत संसदेंत मांडटले अशें ताणी मुखार सांगलें. तशेंच दर सोंपे करून उणे करतात अशें तिणें सांगलें. कर सुटयेची मर्यादा 7 लाखां वयल्यान 12 लाख रुपया मेरेन वाडिल्ल्यान एक कोटी लोकांक आनीक फायदो जातलो. भांडवल खर्चाचेर

भौशीक खर्चांत उणाव जावंक ना अशेंय अर्थमंत्रीन भर दिलो. सरकारान केल्ल्या भांडवल खर्चान जे गुणाकार परिणाम दाखयला ताचेर सरकाराचे भर दिवपाचें काम चालूच आसा अशें ताणी नदरेक हाडलें.

PM Budget -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 हो भारताचा प्रगती खातीर खेळ बदलपी अशी तोखणाय करून देशाच्या विकसित भारता कडेन वचपाच्या प्रवासाक गती दिवपाच्या भुमिकेचेर तांणी भर दिला. काल आपल्या अर्थसंकल्पा उपरांतच्या संदेशांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, केंद्रीय अर्थसंकल्प एआय, खेळणीं उत्पादन, शेती, पांयतणां, अन्न प्रक्रिया, आनी गिग अर्थवेवस्था ह्या सारक्या जायत्या क्षेत्रांनी नवनिर्माण, उद्देजकता आनी टिकावू वाड करपाची वाट मेकळी करता.

दिल्ली विधानसभा -

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेखातीरचो प्रचार फाल्यां सोंपता. ताकालागून राजकी पक्षांनी मतदारांक आकर्षित करपाचे यत्न वाडयल्यात. 70 वांगड्यांची दिल्ली विधानसभेची वेंचणूक बुधवारा जातली आनी ह्या म्हयन्याचे 8 तारखेक, मतांची मेजणी जातली. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दनपारां, आरके पुरम हांगा भौशीक बसकेंत उलोवप करतले. राजिंदर नगर, चांदनी चौक आनी लक्ष्मी नगर हांगा पक्ष फुडारी आनी केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग रॅलीक संबोधित करतले.

भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी आनी गृहमंत्री अमित शाहा हाणी काल दिल्लींत जायत्यो रॅली घेतल्यो. शाहान, आप फुडारी अरविंद केजरीवालाचेर टिका करून अन्ना हजारे चळवळी वेळार, दिल्लीच्या लोकांक राजकी पक्ष तयार करचो ना अशें उतर दिवन, लोकांक चुकीची वाट दाखयली, असो आरोप तांणी केलो.

काँग्रेस फुडारी राहुल गांधीन सदर बाजारांत, जाल्ले भौशीक बसकेंत देशांत दोन विचारसरणीं मदीं, झगडीं दिसतात असो दावो केलो. तो म्हळयार एक दुस्वास आनी हिंसाचार, आनी दुसरी मोग आनी भावपण. काँग्रेसीची खासदार प्रियंका गांधी वाड्रा हांणी, चांदनी चौकांत वेंचणुक रॅली घेतली. आप फुडारी अरविंद केजरीवाल हांणी जायत्या भौशीक बसकांनी उलोवप करून, आपल्या सरकारान दिल्लीच्या शाळांनी, हॉस्पिटलांनी, भौशीक सेवांनी केल्ल्या सुदारणांचेर भर दिलो.

Ashwini Vaishnav Budget -

सरकारान 2025-26 वित्तीय वर्सा खातीर केंद्रीय अर्थसंकल्पांत 11.21 लाख कोटी रुपया भांडवल खर्चाचें मोख दवरलां आनी मुळाव्या साधनसुविधां वरवीं वाडपाची आपली वचनबद्धताय घटमूट केल्या. संरक्षण आनी रेल्वे खातीर सरकारान अर्थसंकल्पीय प्रमाणांत बरेंच  वाटप केला. ह्या संघटणेच्या अर्थसंकल्पांत संरक्षणा खातीर विक्रमी 6 लाख 81 हजार कोटी रुपयांची वाटप जाल्या, जी चालू अर्थीक वर्सा परस 9.53 टक्क्यांनी वाड जाल्या. रेल्वे आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025 वरवीं विकसित भारता खातीर रस्तो नकासो तयार केला. प्रसार माध्यमाकडेन  उलयतना मंत्री  वैष्णव हाणी सांगलें की रेल्वे खातीर भांडवल खर्च व्हड आसा, 2.52 लाख कोटी परस चड एकूण अर्थसंकल्पीय आदार आसा. त्या रेल्वेमार्गान आपलें जाळें वाडयलां, बऱ्या  प्रकारचीं गाडयो मेळटात आनी त्याच वेळार सुरक्षेचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें तांणी सांगलें.

Bijapur Maoist -

छत्तीसगडांत काल बीजापूर जिल्ह्यांत सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकीत  आठ माओवाद्यांक मरण आयलें. पुलिसांच्या म्हणण्या प्रमाण जिल्लो केंद्रीय राखीव पुलीस दळ (सीआरपीएफ) ताचो एलिट युनिट कमांडो बटालियन फॉर रिझोल्यूट ऍक्शन (CoBRA ) आनी गंगळुर वाठारांत माओवाद्यांच्या हाजिरे विशीं गुप्तचर म्हायती मेळळया उपरांत खाशेल्या कार्यदळान नक्सली विरोधी कारवाय सुरू केली.

Ghar Voting -

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर घर  मतदान सुविधा सगल्या 70 विधानसभा मतदारसंघांनी वेगवेगळया अपंगत्व व्यक्तींनी आनी 85 वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या ज्येश्ठ नागरिकांनी उमेदीन वापरपाक सुरवात केल्या. दिल्लीच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यान निवेदनांत म्हणलां कि , घरांत मतदानाची सुविधा 85 वर्सां वयर आशिल्ल्या मतदारांक आनी अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींक मेळटा. घरगुती मतदान सुविधा खाला वट्ट नोंदणीकृत मतदारांतल्या 92 टक्के मतदारांनी फाटल्या म्हयन्याच्या 31 तारखे मेरेन येसस्वीपणान मतां दिल्यांत. हातूंत 5,982 ज्येश्ठ नागरिक आनी 998 अपंगत्व आशिल्ले लोक आसपावीत आसात.डिस्ट्रिक्ट वेस्टांत सगळयांत चड घरगुती मतदानाची संख्या 94 टक्के नोंद जाल्या. वेंचणूक आयोगाच्या प्रोटोकॉलांक पाळो दिवन सर्तकांक घरगुती

मतदारांचें वेळापत्रक आनी वळेरी सांगल्या , जाका लागून पारदर्शक आनी समावेशक वेंचणूक प्रक्रिया सुनिश्चीत जाली. घरगुती मतदानांत जाल्ली म्हत्वाची वाड मतदारांची जागृताय आनी सुलभताय वाडत आशिल्ल्याचें प्रतिबिंबीत करता, जाका लागून समावेशक लोकशाय सहभागाची वचनबद्धताय बळकट जाता.ही सेवा 24 जानेवारी सावन सुरू जाल्ली आनी नेमान मतदान सुरू जावचे एक दीस आदीं मंगळारा मेरेन उपलब्ध उरतली.

<u>हॉकी इंडिया लीग फायनल – 150</u>

काल रातीं रौरकेला हांगाच्या, खचाखच भरिल्ल्या बिरसा मुंडा स्टेडियमांत, श्राची राहर बंगाल टायगर्सान, हैदराबाद टूफन्साक 4 आड 3 अशे रोमांचक फायनलींत हारोवन, दादल्या हॉकी इंडिया लीग (एचआयएल) खिताब जिखलो. जुगराज सिंगाची हॅट्रीक आनी सॅम लेन हाच्या म्हत्वाच्या गोलान, टायगर्साक जैत मेळोवन दिले. जुगराजान 25, 32 आनी 35व्या मिणटार, गोल केलो जाल्यार लेनान 54व्या मिणटार जैतिवंत गोल केलो. टूफन संघा खातीर 9व्या आनी 39व्या मिणटार, गोंझालो पेयला-टान दोन गोल केले, जाल्यार अमनदीप लक्रा हाणें 26व्या मिणटार एक गोल ताका जोडलो. मॅचीची रोमांचक सुरवात जाली आनी टूफन्सान, पेनल्टी कॉर्नर फ्लिकांतल्यान फुडाकार घेतलो. तिसऱ्या क्वार्टरांत, जुगराजान पेनल्टी कॉर्नरांतल्यान, आनीक दोन गोल मारून, आपली हॅट्रीक पुराय करून टायगर्साक आघाडी दिली. चार मिनटां उपरांत पेयलाटान, आपलो दुसरो गोल करून, 3-3 अशी बरोबरी केली. निमाण्या क्वार्टरांत फक्त स मिनटां उरिल्लीं आसतना, सॅम लेन हाणें मॅच जिखपी गोल करून, टूफन्साच्या गोलकीपर बिक्रमजीत सिंगाच्या फाटल्यान, बॉल उडयलो आनी टायगर्सान खिताब आपल्या नावार केलो.

ह्या जैताक लागून, श्राची राहर बंगाल टायगर्सान इतिहास घडयला आनी हॉकीच्या अविस्मरणीय हंगामांत पुरुष एचआयएल खिताब जिखला.

## बायला क्रिकेट -

आयसीसी अंडर-19, बायलां टी-20 क्रिकेट विश्वचषकांत, आयज दनपारां मलेशियाच्या कुआलालंपूरांतल्या, बायुमास ओव्हलांत, जावपी शिखर सर्तीत, डिफेंडिंग चॅम्पियन भारत आनी दक्षिण आफ्रिके आड खेळ जातलो. भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 12 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा.

## दादल्यां क्रिकेट -

दादल्यांच्या क्रिकेटांत आयज सांजे मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर, पांचवे आनी निमाणे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारत इंग्लंडा आड खेळटलो. सांजे 7:00 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. पांच मॅचींची मालिका भारतान पयलींच 3-1 अशी जिखल्या. पयल्या दोन खेळांत, यजमानांनी वर्चस्व गाजयलें जाल्यार तिसऱ्या खेळांत, इंग्लंडान जैत मेळयला.

## IMD -

आयज सकाळीं राष्ट्रीय राजधानीत  दाट धुक्याच्या थराक लागून शाराचेर दृश्टीकोनाचेर परिणाम जाला . थंड वारें वांगडा आशिल्ल्या धुक्याक लागून दिल्लींतल्या लोकांक सुरवातीचा वरानी  सामकीं थंडसाण जाली. भारतीय  हवामान खात्यान पंजाब, हरियाणा, दिल्ली आनी उत्तर प्रदेशात  एकसुरे सुवातेर दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला . चडांत चड तापमान 24 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान सुमार 10 अंश सेल्सियस आसपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्याचा म्हणण्या प्रमाण  फुडल्या पांच दिसांत पुराय वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान  3 ते 4 अंश वाडटलें असो अदमास उक्तायला . आयज सकाळीं ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी बिहारात  दाट धुकें पातळपाची  शक्यताय आसा असो अदमास खात्यान उक्तायला.दिल्लींतल्या हवेचो दर्जो आयज सकाळीं  वायट वर्गांत आशिल्लो. आयज सकाळीं 7 वरांचेर हवेचो दर्जो निर्देशांक 341 नोंद जालो.